Panaji National

12th May 2025 8.40am

ऑपरेशन सिंदूर वेळार भारतान पाकिस्तानी सैन्य आनी आतंकवाड्यांचे मोठे लुकसान केले अशे भारतीय लश्कराचे लश्करी कारवाय महासंचालक म्हळ्यार DGMOन सांगले.

दोनूय देशा मदि आज संघर्ष विराम दीर्घ काळ तिगोवन दवरपाचे मार्गांचेर चर्चा जातली.

राष्ट्रीय तपास एजन्सी (एनआयएन) प्रमुख खलिस्तानी कार्यकर्त्याक अटक केल्या.

आज संवसारभर बुध्द पूर्णिमा मनयतात.

अमेरिकेन काल चीना बरोबर वेपारी करार जाहीर केलो.

बायलांच्या क्रिकेटांत भारतान तीन देशांमधली एका दिसाची माळ जिखल्या.

DGMO – 155

भारतीय लश्कराचे लश्करी कारवाय महासंचालक DGMO लेफ्टनंट जनरल राजीव घाई हांणी सांगलें, ऑपरेशन सिंदूरा खाला पाकिस्तान आनी पाक व्याप्त काश्मीरांत णव आतंकवादी अड्ड्यांचेर जाल्ल्या हल्ल्यांत शंबरां वयर आतंकवाद्यांक मरण आयलें. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना डीजीएमओन सांगलें, ह्या दहशतवाद्यांमदि युसूफ अझहर, अब्दुल मलिक रौफ आणि मुदासिर अहमद सारखे दहशतवाड्यांचो आस्पाव आशिल्लो, जे आयसी-८१४ च्या अपहरणात आणि पुलवामा बॉम्बस्फोटात सहभागी आशिल्ले.

भारत आनी पाकिस्तानाचे सैन्य संचालन महासंचालका मजगती आयज दनपारां 12 वरांचेर उलोवणी जातली आनी दोनूय देशां मदलो संघर्ष विराम दीर्घ काळ तिगोवन दवरपाचे मार्गांचेर चर्चा करतले.

आतंकवादाच्या गुन्यांवकारांक आनी नियोजनकारांक ख्यास्त दिवपाचो आनी तांची आतंकवादाची मुळावी बांदावळ नश्ट करपाचो स्पश्ट लश्करी हेत घेवन ऑपरेशन सिंदूराची संकल्पना केल्ली अशें डीजीएमओन सांगलां. ऑपरेशन सिंदूरान सामक्या कष्टान आणि काटेकोरपणेपानांन सीमापार दहशतवाद्यांच्या पायाभूत सुविधांक लक्ष्य केले.

ऑपरेशन सिंदूरात मरण आयल्ल्या सशस्त्र दलातल्या पाच शहीदांक आणि नागरिकांक डीजीएमओने श्रद्धांजली ओपली.

कितले पाकिस्तानी विमान उडयले अशें विचारतकच एअर ऑपरेशन्सचे महासंचालक एअर मार्शल ए.के. भारती हाणी सांगले, तांच्या विमानांक शिमे भितर प्रवेश करपाक आडायल्यात आनी थोडीं विमानां निश्चीतपणान उडयल्यांत. तशेंच हवाई दलानं आपले उद्दिश्ट साध्य केला आनी सगळे पायलट परतून आयल्यात अशें तांणी सांगलें.

NIA Arrest – 70

राष्ट्रीय तपास संस्था - एनआयएन काल एका प्रमुख खलिस्तानी कार्यकर्त्याक अटक केली, जाचे परदेशातलो बब्बर खालसा दहशतवादी आणि कुख्यात गुन्यांवकार हरविंदर सिंग संधू कडेन संबंध आहेत.आशिल्ले. हरविंदर संधू 2016 वर्सा नाभा जेलब्रेक वेळार पळून गेल्लो. खालिस्तानी आतंकवाद कट प्रकरणांत एनआयएन बिहारांतल्या मोतिहारी हांगाच्यान काश्मीर सिंग गलवाडीक अटक केल्या उपरांत हे यश मेळा अशें एनआयएन आपल्या निवेदनांत सांगलां. नाभा बंदखणींतल्यान पळून गेले उपरांत काश्मीर सिंगाचो रिंडा सयत नियुक्त खालिस्तानी आतंकवाद्यां कडेन सक्रीय संबंद आशिल्लो अशें तातूंत म्हणलां.

Delhi Airport – 45

दिल्ली विमानतळाची येरादारी सामान्यपणान चालूच आसा. पूण सध्याच्या हवाई परिस्थिती आनी वाडिल्ल्या सुरक्षा उपायांक लागून कांय उड्डाणाचेर परिणाम जावंक शकता आनी सुरक्षा प्रक्रियेंतल्यान वचपाक चड वेळ लागूं येता अशें दिल्ली आंतरराष्ट्रीय विमानतळ लिमिटेडन सांगलां. प्रवाशांक संकेतथळा वयल्यान उड्डाणाच्या स्थितीची पुष्टी केल्या उपरांत विमानतळार पावपाचो सल्लो दिला.

NDMA – 50

राष्ट्रीय आपत्ती व्यवस्थापन प्राधिकरणान (NDMA) नागरिकांक कसल्याच अज्ञात वस्तूंक हात लावचो न्हय असो सल्लो  जारी केला. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत म्हणलां, हीं स्फोटक पदार्थ आसूं येतात, जीं धोक्याचीं आसूं येतात आनी जिवाक धोको निर्माण करपाक शकता. लोकांक कसलीय अज्ञात सामग्री मेळ्ळी जाल्यार थळाव्या अधिकाऱ्यांक बेगोबेग कळोवचें अशें एनडीएमएन सांगलां.

FPI – 80

ह्या म्हयन्यांत आतां मेरेन परकी गुंतवणुकदारांनी भारतीय शेअर बाजारांत चवदा हजार कोटी रुपयां परस चड गुंतवणूक केल्या. सकारात्मक जागतीक संकेतांक लागून परकी गुंतवणूकदार उत्साहित जाल्या. डिपॉझिटरींच्या आंकड्यां प्रमाण फॉरेन पोर्टफोलियो इन्व्हेस्टर्स वा एफपीआय हांणी 9 मे मेरेन इक्विटींत 14,167 कोटी रुपयांची गुंतवणूक केल्या.पूण एफपीआय रिणांतल्यान 3,725 कोटी रुपया काडले. भारतीय इक्विटींतली ही सकारात्मक गती एप्रीलांत 4,223 कोटी रुपयांची निव्वळ गुंतवणूक केल्या उपरांत जाल्या. हाचे आदीं एफपीआयन मार्चांत 3,973 कोटी रुपया, फेब्रुवारींत 34,574 कोटी रुपया आनी जानेवारींत 78,027 कोटी रुपया काडिल्ले.

Buddha Purnima – 90

आयज बुध्द पूर्णिमा. गौतम बुध्दाचो जल्म  आनी निर्वाण ह्याच दिसा जाले. ताका बोध गया हांगा महाबोधी झाडाखाला निर्वाण प्राप्त जाले. बुद्ध पौर्णिमा हा भारत, नेपाळ, भूतान, बर्मा, थायलंड, तिबेट, कोरिया, लाओस, व्हिएतनाम, मंगोलिया, कंबोडिया, सिंगापूर, इंडोनेशिया आणि श्रीलंकेंतल्या बौध्द आनी हिंदू लोकांचो एक मुखेल सण.

राष्ट्रपती आणि उपराष्ट्रपतींनी देशवासियांक बुद्ध पौर्णिमेच्यो शुभेच्छा दिल्या. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी म्हळां, भगवान बुद्ध हे करुणेचे अवतार आशिल्ले  आणि तांचो अहिंसा, प्रेम आणि दयाळूपणाचो संदेश मानवजातीच्या कल्याणाचो मूलभूत आधार आसा. उपराष्ट्रपती जगदीप धनखड हाणी म्हळां, भगवान बुद्धांचो संदेश आव्हानात्मक काळात ध्रुव ताऱ्या सरखो आसा.

US – China – 50

अमेरिकेन काल रातीं स्वित्झर्लंडांतल्या जिनेव्हा शारांत चीना बरोबर वेपारी करार जाहीर केलो. व्हाइट हाऊसान जाहीर केल्ल्या निवेदनां प्रमाण अमेरिकेचे वित्त मंत्री  स्कॉट बेसेंट हांणी चीना कडेन जाल्लीं उलोवणी खूब फलदायी आशिल्ल्याचें म्हळां आनी आयज ह्या  कराराची माहिती आज शेअर करतले अशे सांगला.  तांणी चर्चेचे आयोजन केल्याबद्दल स्विस सरकारचे आभार मानले.

US Iran – 50

तेहरानाच्या अणु कार्यावळी विशीं अमेरिका आनी इराण हांचे मदीं जाल्ली चवथी फेरी काल ओमानाची राजधानी मस्कतांत सोंपली. दोनूय पक्षांनी परतून मेळपाचें मान्य केलें.

अमेरिकेचे मध्य पूर्व दूत स्टीव्ह विटकॉफ हाणी मस्कतातली चर्चा उत्साहवर्धक आशिल्ल्याचे म्हळां, जाल्यार इराणचे परराष्ट्र मंत्री अब्बास अराघची हाणी वाटाघाटी "कठीण पण उत्पादक" आशिल्ल्याचे वर्णन केले.

Khelo India – 130

खेळो इंडिया युथ खेळां सर्तींत महाराष्ट्राच्या खेळगड्यांचे जैत मेळोवप चालूच आसा. खेळाच्या आठव्या दिसा महाराष्ट्रान आनीक एक भांगरा पदक जिखल्या उपरांत तांची वट्ट पदकांची संख्या 75 मेरेन वाडली, तातूंत 28 भांगरा पदकांचो आस्पाव जाता.

महाराष्ट्रान सुरवाती सावन पयली सुवात तिगोवन दवरल्या. तशेंच महाराष्ट्राच्या खेळगड्यांक 22 रुप्या आनी 25 कांस्य पदकां मेळयल्यात.

कर्नाटक 14 भांगरा पदकां सयत 39 पदकां घेवन दुसरे सुवातेर आसा, जाल्यार राजस्थान वट्ट 23 पदकां घेवन तिसऱ्या क्रमांकाचेर आसा.

खेळो इंडिया युथ गेम्स जशी जशी फुडें वता तशी तशी आंतरराश्ट्रीय खेळां खातीर आशादायक प्रतिभाय वेगवेगळ्या खेळांत उदयाक येवपाक लागल्यात. जलतरण मळार अदिती अशोक हेगडे, weight लिफ्टिंगत, हर्ष वर्धन साहू, तिरंदाजीत तेजल साल्वे आनी हेर जायत्या प्रतिभावान खेळगड्यांनी हे खेपे उत्कृश्ट कामगिरी दाखयल्या. चलयांच्या 49 किलो वजनाच्या वर्गांत खेळो इंडिया युथ गेम्सांत महाराष्ट्राची आस्मिता धोणेन नवो विक्रम केलो.